2022 XI 22 | 0230 | Seat No. [ | | | | ]

Time : 1½ Hours | **FIRST TERM** | KONKANI LANG. II

**Subject Code**

| H | 4 | 4 | 2 | 2 |
|---|---|---|---|---|

**Total No. of Questions : 40 (Printed Pages : 12) Maximum Marks : 40**

**सुचोवण्यो :** (*i*) सगळे प्रस्न सक्तीचे आसात.

(*ii*) दरेका प्रस्नाक उजवेवटेन दाखयिल्लो **1** गुण आसतलो.

(*iii*) दरेका प्रस्नाक सकयल दिल्लो एकूच पर्याय वेंचून. जापपत्रिकेचेर (OMR Sheet) [•] कुरू करात.

सकयल दिल्लीं विधानां कोणे कोणाक म्हणल्यांत तीं वळखात.

1. गोंयकार जगाभायले न्हय! 1

(A) डॉ. लोहियान डॉ. मिनेझिसांक म्हणलें

(B) पुरुषोत्तम काकोडकारान डॉ. लोहियांक म्हणलें

(C) डॉ. लोहियान तांकां मेळूंक गेल्ल्या गोंयच्या लोकांक म्हणलें

(D) गोंयच्या लोकांनी डॉ. लोहियांक म्हणलें

2. सांवार आयला बाळा तेंचेर! 1

(A) व्हडल्या मामान रमेशाक म्हणलें

(B) मदल्या मामान रमेशाक म्हणलें

(C) आवयन रमेशाक म्हणलें

(D) सदान रमेशाक म्हणलें

3. दिवो पेटयात मरे : 1

(A) लाडूमामान लेखकाच्या व्हडल्या भावाक म्हणलें

(B) दिवो दाखोवप्यान लेखकाक म्हणलें

(C) लेखकान आपल्या व्हडल्या भावाक म्हणलें

(D) लाडूमामान नुस्तें घरप्याक म्हणलें

4. आमकां फुटके पायलेनच मेजपाचें : 1

(A) वासुदेवबाबान आपल्या पुताक म्हणलें

(B) लेखकान वासुदेवबाबाक म्हणलें

(C) जाण्टे बायलेन आपल्या पुताक म्हणलें

(D) वासुदेवबाबान लेखकाक म्हणलें

5. चल हांव तुका घर करून दितां : 1

(A) दोतोर अरुणान शामीक म्हणलें

(B) शामीन दोतोर अरुणाक म्हणलें

(C) दोतोर अरुणान मुन्नीक म्हणलें

(D) मुन्नीन अजयाक म्हणलें

सकयल दिल्ल्या प्रस्नांची योग्य ती जाप वळखात.

6. पुरुषोत्तम काकोडकारान अठरा जुनाचे बसकेची खबर गोंयकारांक कशी कळयली ? 1

(A) गांवागावांनी भोवन लोकांक सांगलीं

(B) गोंयभर वळखिच्या सगल्यांक कार्डां बरोवनं सुचीत केलें

(C) '3 हेराल्दु' खबरापत्राचेर ही खबर छापून हाडली

(D) डॉ. लोहियांच्या सांगातान रचना गांवांत भोवन कळयली

7. आंब्यातेपाक येयल्यार व्हडली मामी रमेशाक कितें दिताली ? 1

(A) बशीभर काजुच्यो बियो दिताली

(B) घोडकां फोडून बशेंत घालून दिताली

(C) आंब्याचीं कापां करून खावपाक दिताली

(D) आंबे कापून बशीभर शिरो दिताली

8. शिंयाची झुळूक लागतकच लेखक कितें करतालो ? 1

(A) दिव्याची उब लागची म्हूण दिवो घरप्याच्या सामको तेंकून उबो रावतालो

(B) दिवो हातांतलो वयर करून उब घेतालो

(C) दिवो घरप्याचो दिवो आपल्या हातांत घेतालो

(D) दिव्याची उब लागची न्हय म्हूण दिवो घरप्याच्या फुडें फुडें वतालो

9. जाण्टेपणांत घोव-बायलेक एकामेकांची गरज कशी लागता ? 1

(A) आदार जाय असो ना, वेळ जाय पडटा

(B) आदार जाय आसता, सांगात जाय आसता

(C) बरेतरेन वागोवपाची गरज लागता

(D) आदाराबगर एकठांय रावपाची गरज लागता

सकयल दिल्ल्यो कवितेच्यो वळी पुराय करपी योग्य तें उतर वळखात.

10. जायां जुयां परमळान

आबोलेचीं मोर्नी ................. . 1

(A) गितां

(B) कुवनां

(C) पदां

(D) गायनां

11. सात सात जाकिनां .................. जातीत मूं सान्नां. 1

(A) चोवदा

(B) धा

(C) बारा

(D) सात

12. मागदेरिंच्या केळी माथ्यालें

घडालें पिकून .................. जालां. 1

(A) चांदी

(B) रूपें

(C) भांगर

(D) शिंगर

13. उगत्या मळार तेंकून धगा

याद दियात सगळ्या .................. . 1

(A) संवसारा

(B) विश्वा

(C) लोका

(D) जगा

सकयल दिल्ल्या कवितेंतल्या प्रस्नाची योग्य ती जाप वळखात.

14. 'गोमटें गोंय' कविता रचपी कविचें नांव वळखात : 1

(A) र. वि. पंडित

(B) शंकर भांडारी

(C) हरदत्त खांडेपारकार

(D) चा. फ्रा. दिकॉश्ता

15. ‘हाड चेडवा बुडकुलो’ कवितेंतलो मोगी आपल्या व्होरा मुखल्यान कसली गाडी वच्चिना अशें म्हणटा ? 1

(A) मोटारगाडी

(B) घोड्यागाडी

(C) मामागाडी

(D) रस्मागाडी

16. गोठ्यांत हांबे हांबे करून कोण रडटात ? 1

(A) म्हसरां

(B) गोरवां

(C) गायो

(D) बोकड्यो

सकयल दिल्ल्या उतरांचें उरफाट्या अर्थाचें योग्य तें उतर वळखात. 1

17. पोरणें

(A) नावनवें

(B) नवोदीत

(C) नवें

(D) नवनीत

18. वळख 1

(A) बिनवळख

(B) अनवळख

(C) नावळख

(D) अवळख

19. सुदैव 1

(A) दुर्दय

(B) दुर्दवी

(C) दुर्दूयी

(D) दुर्देव

सकयल दिल्ल्या उतराचें योग्य तें विशेशण रूप वळखात.

20. तेज 1

(A) तेजमय

(B) तेजमान

(C) तेजिश्ट

(D) तेजत्व

21. उमेद 1

(A) उमेदी

(B) उमदी

(C) उमेदीर

(D) उमेदीन

22. कर्तृत्व 1

(A) कर्तृत्वाय

(B) कर्तृत्वकाय

(C) कर्तृत्वपण

(D) कर्तृत्वी

सकयल दिल्ल्या उतराचें योग्य तें भावनाम वळखात.

23. रूंद 1

(A) रुंदी

(B) रुंदाय

(C) रुंदपण

(D) रुंदताय

24. हून 1

(A) हुनसाय

(B) हुनपण

(C) हुनसाण

(D) हुनाय

25. दोतोर 1

(A) दोतोरकी

(B) दोतोरकाय

(C) दोतोरी

(D) दोतरपन

सकयल दिल्लीं वाक्यां पुराय करपी योग्य तें क्रियापदाचें रूप वळखात.

26. ओले, रेंवेक आकार दीत होव कोट .................... . 1

(A) भरतां

(B) घडटा

(C) बांदतां

(D) खोडटा

27. वासरेंत हांव न्हिदून .................. . 1

(A) बसलों

(B) सांगलों

(C) धावलो

(D) पडलो

सकयल दिल्ल्या ओपारींक लागपी योग्य तो अर्थ वळखात.

28. गरज जाली वैज मेलो 1

(A) गरज भागली की कोण कोणाक नाका

(B) गरज पडटाली तेन्ना नाका जालो

(C) आयज म्हाका जाय आसलो तो गेलो

(D) गरजेबगर कोण कोणाक पळयना

29. ह्या कानान आयकली त्या कानान सोडली : 1

(A) जाणा जावन एका कानान आयकप

(B) जाणा जावन दुर्लक्ष करप

(C) एका कानान आयकत रावप

(D) ह्या कानांतल्यान त्या कानांत करप

30. बोब मारली म्हूण गिराण पळना : 1

(A) बोवाळ घालत रावल्यार कामां जायनात

(B) बोवाळ घालत रावलो म्हूण कोण धावन वचना

(C) बोवाळ घालत रावल्यार काळोख पयस जायना

(D) बोवाळ घालो म्हूण संकटां पयस जायनात

कंवसांत सुचयिल्लेप्रमाण बदल जावपी योग्य ती जाप वळखात.

31. खर्चांडेचें आंग खरबें आशिल्ल्यान ती सट्ट करून नदरेक पडना (हयकारी वाक्य वळखात) 1

(A) खर्चांडेचें आंग खरबें आशिल्ल्यान ती सट्ट करून नदरेक कशी पडटली ?

(B) खर्चांडेचें आंग खरबें आशिल्ल्यान ती सट्ट करून नदरेक कशी पडत काय ?

(C) खर्चांडेचें आंग खरबें आशिल्ल्यान ती सट्ट करून नदरेक कशी पडटली काय ?

(D) खर्चांडेचें आंग खरबें आशिल्ल्यान ती सट्ट करून नदरेक पडटलीच अशी आसा ?

32. तुमीच होंका समजावन घरा धाडून दिवशात ? (आज्ञार्थी वाक्य वळखात) 1

(A) तुमीच होंका समजावन घरा धाडून दीन

(B) तुमीच होंका समजावन घरा धाडून दियात

(C) तुमीच होंका समजावन घरा धाडल्यार जाता

(D) तुमीच होंका समजावन घरा धाडून हाडात

33. दिपकावणी जोतें घालूंक सरनासलें. (आडी मारिल्ल्या उतराचें योग्य तें विभक्ती रूप वळखात) 1

(A) दिपकावण्यान

(B) दिपकावणार

(C) दिपकावणेक

(D) दिपकाबणेंतल्यान

34. तूं जेवतां जेवतां झेमेवंक लागतलो. (वाक्याचो काळ वळखात) 1

(A) भविश्यकाळ

(B) भूतकाळ

(C) वर्तमानकाळ

(D) पूर्ण वर्तमानकाळ

सकयल दिल्ल्या वाक्यांत आडी मारिल्ल्या उतरांच्या जाग्यार योग्य तो वाक्प्रचार वळखात.

35. जेवन हांव विसव घेतां. 1

(A) आंग काडटां

(B) न्हिदेचें सवंग करतां

(C) जड जातां

(D) आड पडटां

सकयल दिल्लो उतारो वाचून ताच्या सकयल दिल्ल्या प्रस्नांक फावो ती जाप वळखात.

आयज मनशाक योगाची अत्यंत गरज आसा. आतां लोकांक योगाचें म्हत्व कळटा. योगा करप म्हणजे दोळे धांपून एका जाग्यार बसप न्हय महारूशी पतंजलीन योगासनां शिकयिल्लीं आसात. मशीन बेरं चलपाखातीर तेल घालचें लागता. तशेंच आपलें शरीर (कूड) बरें राखपा खातीर योगासनां करचीं पडटात.

आयज मनीस तणावाक लागून मनशाचें हास्य आनी आनंदाची पातळी कमी जायत वता. मोठ्या मोठ्यान हांसपाची संवय करूंक जाय. महात्मा गांधी मोठ्या मोठ्यान हांसताले.

मनीस हांसतकच ताचो मानसीक तणाव कमी जाता. हांसप हें उत्तम वखद अशें विचारवंत लोक मानतात जो मनीस आपले हात दूसऱ्याच्या कल्याणाखातीर वापरता, दुसऱ्याचें शूभ इच्छिता, कल्याण करूंक इच्छिता ताका खरी बरी भलायकी प्राप्त जाता.

**प्रस्न :**

36. आयज मनशाक योगाविशीं कितें कळून आयलां ? 1

(A) मनशान योगाबगर शवंक जायनो

(B) आयज मनशाक योगाची अत्यंत गरज आसा

(C) योगा केल्यारूच मनीस बरो उरतलो

(D) योगाची मनशाक गरज ना

37. ‘वायट’ ह्या उतराचें खंयचें उरफाटें उतर वयल्या उता-यांत आसा ? 1

(A) खरें

(B) शूभ

(C) बरें

(D) कमी

38. तणावाक लागून कसलो परिणाम मनशाचेर जावपाक लागता ? 1

(A) मनशाक योगासनां करचीं पडटात

(B) मनशाक योगाची गरज कळटा

(C) मनीस तणावाचेर वखद सोदपाक लागता

(D) मनशाचें हास्य आनी आनंदाची पातळी कमी जायत वता

39. मनशान कसली संवय करून घेवपाक जाय ? 1

(A) मोठ्या मोठ्यान हांसपाची संवय करूंक जाय

(B) दुस-याचें कल्याण करपाक जाय

(C) दुस-यांचें शूभ चिंतूंक जाय

(D) एका जाग्यार बसून रावपाची संवय करूंक जाय

40. सकयल दिल्लो खंयचो माथाळो उता-याक योग्य लागता तो वळखात : 1

(A) हांसप चड बरें न्हय

(B) बरे भलायकेचें उत्तम वखद ‘हांसप’

(C) चड योगा भलायकेक वायट

(D) हांसपान योगा बिगडटा